प्रादेशिक खबरो ३०१०२०२५ @ ७.20 PM

वेगवेगळ्या सुवातानी आज मुख्लमंत्री प्रमोद सावंत हाणी वितरीत केले म्हजे घर येवजणेचे अर्ज

मुखेल सरकारी म्हामंडळां आनी संस्थांचे व्हड प्रमाणात फेरबदल करताना,गोंय सरकारान जायत्या संस्थांनी नवे अध्यक्ष नेमल्यात

तियात्र माचयेर जॉली बॉय ह्या नांवान लोकप्रिय आशिल्ले म्हालगडे तियात्रिस्त सेबास्टियन फर्नांडीस आणि गोंय मुक्ती चळवळीतले म्हालगडे सुटके झुजारी वामन प्रभूगावकार आज संसाराक अंतरले

जिमनास्टीक फेडरेशन ऑफ इंडिया GFI न गोंयच्या खेळां आनी तरणाटे वेव्हार संचालनालय आनी गोवा खेळां प्राधिकरणाच्या सहकार्यान 14 वी ॲक्रोबॅटिक जिमनास्टीक आशियाई चॅम्पियनशिप 2025 जाहीर केल्या

रुका म्हळ्यार Regularisation of unauthorised construction ह्या कायद्याखाला कोमुनीदाद वा सरकारी जमनीत बांदिल्ली घरां लेगीत परतून नोंदणीकृत करची पडटली अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलां. सावर्डे वाठारांत म्हजें घर येवजणेचे अर्ज वितरीत करपाच्या कार्यावळींत ते काल उलयताले. सावर्डे मतदार संघाची ही कार्यावळ काल सांजे उसरां जाली. पोन्ने घर मोडून नवें घर बांदपाक लेगीत कसलीच आडखळ येंवची न्ही म्हूण ' रुका ' कायद्यात फावो ती तजवीज केल्या अशें मुखेलमंत्र्यांनी सांगलें BYTEरुका

गोंयकारांची घरां वाटावपा खातीर सरकारान म्हजे घर येवजण सुरू केल्या, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें. पर्वरी मतदारसंघात म्हजे घर येवजणेच्या अर्ज वाटपाच्या कार्यावळीत ते उलयताले. सरकारी, कोमुनिदाद तशेच खाजगी जमिनीतली अनधीकृत घरां अधीकृत करपी येवजणेच्या अर्जांचे वांटप करपी कार्यावळी सुरू आसा. आयज पर्वरी आनी साळगाव मतदारसंघात कार्यावळी जाल्यो.पर्वरी हांगा जाल्ले कार्यावळीत पर्यटनमंत्री रोहन खंवटे, राज्यसभा खासदार सदानंद शेट तानावडे हाजीर आशिल्ले.सरकाराक कोणाचेच घर मोडपाचे ना. न्यायालयाच्या आदेशाक लागून उपजिल्हाधिकाऱ्याक घर

मोडपाच्या आदेशाची कार्यवाय करची पडटा. घर मोडटा तेन्ना सराकाराक लोक गाळी सोवता. अशें प्रकार बंद करपा खातीर सरकारान म्हजे घर येवजण सुरू केल्या. जानी विरोध केलो त्या विरोधकांक मात घरां नियमीत जाल्ली नाका, असो आरोप मुखेलमंत्र्यांनी केलो.

मुखेल सरकारी म्हामंडळां आनी संस्थांचे व्हड प्रमाणात फेरबदल करताना,गोंय सरकारान जायत्या संस्थांनी नवे अध्यक्ष नेमल्यात. गोंय खादी आनी गांग्रामोद्योग मंडळाचे अध्यक्ष म्हणून कुठ्ठाळीचे आमदार आंतोनियो वास हाची नेमणूक जाल्या, जाल्यार आदले उपमुख्यमंत्री चंद्रकांत कवळेकार कला अकादेमीचे मुखेली आसतले.गोविंद पर्वतकार हांका गोंय शिक्षण उदरगत म्हामंडळाचे अध्यक्ष म्हणून नेमणूक केल्या, आनी संकल्प आमोणकार सांडपाणी आनी मुळावी बांदावळ उदरगत म्हामंडळाचे अध्यक्ष आसतले. बाल भवनांत दयानंद सोपटे पदभार घेतलें, जाल्यार केदार नायक हांकां गोंय पर्यटन उदरगत म्हामंडळाचे अध्यक्ष म्हणून नेमणूक केल्या.गोंय राज्य मुळावी बांदावळ उदरगत म्हामंडळाचे अध्यक्ष आतां मायकल लोबो आसतले , तर दयानंद मांद्रेकार हांची गोंय राज्य अनुसुचीत जाती आनी हेर मागासवर्गीय वित्त आणि विकास महामंडळाचे अध्यक्ष म्हणून नेमणूक जाल्या.ते भायर गोंय कायदो आयोगाचे नवे अध्यक्ष म्हणून ॲलेक्स सेक्विरा हांची नेमणूक जाल्या.

तियात्र माचयेर जॉली बॉय ह्या नांवान लोकप्रिय आशिल्ले म्हालगडे तियात्रिस्त सेबास्टियन फर्नांडीस हे जाण्टेपणाक लागून आयज पिरायेच्या ८२ वर्सां संवसाराक अंतरले. बरो तियात्र लेखक आनी गीतकार म्हणून तांची नामना आशिल्ली. तांचे कुडीचेर 1 नोव्हेंबराक करमळी हांगा निमणे संस्कार जातले अशी म्हायती गोवा तियात्र अकादेमीन दिल्या.
२३ मार्च १९४३ दिसा जल्मल्ले फर्नांडीस हे स दसकां परस चड काळ तियात्र मळार सक्रीय आसले आनी आतां मेरेन माचयेर ३६ परस चड तियात्र बरोवन तांणी सादर केले. मिलाग्रिचो खुरीस, थँक्यू डॉक्टर, मोग आनी काजार हीं तांचे कांय नामनेचे तियात्र. तांणी तियात्राच्या माचयेर हजारां परस चड गितां

बरयल्यात आनी सादर केली. ह्या तियात्रात केल्ल्या कामाखातीर तांचो कला गौरव पुरस्कार, गुलाब तियात्र पुरस्कार आनी हेर पुरस्कारान तांचो गौरव केल्लो. गोवा तियात्र अकादेमीचे अध्यक्ष अँथनी बार्बोझा हांणी तांच्या मरणा विशीं दुख्ख परगटायलां.

मांद्रे मतदारसंघात आयज म्हजे घर कार्यावळ जाली. मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत,मांद्रेचे आमदार जीत आरोलकार, राज्यसभेचे खासदार सदानंद शेट तानावडे, बाल भवनाचे अध्यक्ष आनी मांद्रेचे माजी आमदार दयानंद सोपटे उत्तर गोय जिल्होधिकारी अंकीत यादव तशेंच हेर मानेस्त हाजीर आशील्ले. घरा नावार करपी म्हजे घर हो उपक्रम गोंयच्या बऱ्याचश्या नागरीकांक थाकाय दीवपी आसा अशे मत ह्यावेळार जीत आरोलकार हांणी व्यक्त केलो. Byte जीत

घरा नावार करपाच्या ह्या उपक्रमाचो लाव अशी घरा आशील्ल्या मनशांनी घेवचो अशे आवाहन जीत आरोलकार हांणी केला. म्हजे घर उपक्रम कायद्याच्या चौकटीन तयार केला. सर्वसामान्यांची घरा जी कीचकट प्रक्रीयेक लागुन कायदेशीर जावपाची अडकुन उरता, अशा सगळ्या घरांक कायदेशीर करपाची प्रक्रीया म्हजे घर येवजण सरकारान चालीक लायला अशे मुखलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी सांगले. byte cm मांदरे

गोंय मुक्ती चळवळीतले म्हालगडे सुटके झुजारी वामन प्रभूगावकार हे आयज सकाळी पिराएच्या ८७ वर्सा संवसाराक अंतरले.. तांच्या फाटल्यान घरकान्न सुमन, पूत अमित आनी नातरां असो परिवार आसा. आयज दनपरा तांचे कुडीचेर मडगावच्या मठग्रामस्थ हिंदूसभेच्या मसंडभुंयेत निमणे संस्कार जाले प्रभूगावकार हांणी विद्यार्थी आसतानाच गोंय मुक्ती चळवळीत उडी घेतिल्ली. कारवारच्या हिंदू विद्यालयात शिकताना थंय आशिल्ले शिक्षक रामदास फेणे हांच्या संपर्कातल्यान ते आणि तांचे सांगाती गोय मुक्ती चळवळीकडेन वळ्ळे. १८ जून १९५५ ह्या दिसा प्रभूगावकार हांणी आपले ते तीन सहकारी मधूसूदन कामत, फटी प्रभूगावकार आनी जनार्दन फळदेसाय हांच्या वांगडा म्हापशा सत्याग्रह

केलो. तांची भलायकी कांय प्रमाणात इबाडिल्ल्यान मडगावच्या एका खासगी इस्पितळात तांकां दाखल केल्ले आसतानाच आयज सकाळी तांकां मरण आयले.

साखळी नगरपालिका वाठारात रावपी नागरिकांनी येवपी  काळात सोलर पॅनल बसोवपाच्या नदरेतल्यान मुखार सरपाची गरज आसा अशें नगराध्यक्ष सिद्धी प्रभू पत्रकाराकडे उलयताना सांगले. ह्या वेळर उपनगराध्यक्ष दयानंद बोर्येकर, नगरसेवक आनंद काणेकर हजर आसले.

काळाची गरज म्हणून वळखल्ल्या वाठारांनी लक्ष केंद्रीत करून ताण वेवस्थापनावेले समारोप सत्र गोंय पुलीस राजपत्रीत अधिकारी सभागृहात गोंय पुलीस आयजीपी के.आर. चौरसिया आनी एसपी धर्मेश आंगले आनी एसपी एसबी हांच्या देखरेखीखाला आयोजीत केले. ही कार्यावळ "मानस मेंटर्स" उपक्रमाचो एक भाग ज्याचे उक्तावण मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत यांनी डिसेंबर २०२४ त  डीजीपी आलोक कुमार आणि गोवा पोलिसांचे वरिष्ठ अधिकारी हाणी केले

गोवा राज्य शिक्षणीक संशोधन आनी प्रशिक्षण मंडळ, गोंय, गोवा विज्ञान केंद्र मीरामार आनी  गोंय आनी नेहरू विज्ञान केंद्र, मुंबय हांच्या सहकार्यान, २६  ते २८  नोव्हेंबर २०२५  मेरेन राज्य पांवड्यार विज्ञान प्रकल्प सर्त आयोजीत केल्या.

जिमनास्टीक फेडरेशन ऑफ इंडिया GFIन गोंयच्या खेळां आनी तरणाटे वेव्हार संचालनालय आनी गोवा खेळां प्राधिकरणाच्या सहकार्यान 14 वी ॲक्रोबॅटिक जिमनास्टीक आशियाई चॅम्पियनशिप 2025 जाहीर केल्या .ही चॅम्पियनशिप 31 ऑक्टोबर ते 2 नोव्हेंबर 2025 मेरेन सकाळीं 10:00 वरांचेर पेड्डेम इनडोर स्टेडियम, करसवाडा, मापसा जातली. हे विशी खेळा संयोजक मनोहर कामत हाणी सांगले

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 28.2  डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 22.6 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला.